18th March 2026 7.25am

नमस्कार आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक खबरा

सुशांत

केंद्रीय वेंचणूक आयोगान 9 एप्रील 2026 दिसा, फोंडेची पोटवेंचणूक जातली, अशें जाहीर केलां. ते प्रमाण सरकारी पांवड्यार वेंचणुकेची तयारी सुरू जाल्या. दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी एगना क्लिटस हाणी मडगाव हांगाच्या माथानी सालढाना प्रशासकीय इमारत सभाघरांत, नोडल आनी संपर्क अधिकाऱ्यांची काल बसका घेतली आनी तांचे कडेन वेंचणुके विशीं चर्चा केली. ह्या वेळार अतिरिक्त जिल्लोधिकारी श्रीनेत कोठवाले, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी रमेश गांवकार आनी वेगवेगळ्या खात्याचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार मतदान कर्मचाऱ्यांची नेमणूक, वेगवेगळ्या सरकारी खात्यां मदलो समन्वय, वेंचणूक आयोगान जारी केल्ल्या मार्गदर्शक तत्वां आनी नेमांक पाळो दिवप तशेच मतदान प्रक्रिया कशी सोपी आणि सुटसुटीत करप, हाचेर चर्चा जाली. मजगती, वेंचणूक आयोगान जाहीर केल्ल्या प्रमाण, हे वेचणुकेचे उमेदवारी अर्ज 23 मार्च मेरेन भरपाक मेळतले. अर्जांची तपासणी 24 मार्चाक जातली. अर्ज फाटीं घेवपाची निमाणी तारीख 26 मार्च असून, 9 एप्रिल ह्या दिसा मतदान जातले. मतांची मेजणी 4 मे दिसा जातली.

गणेश

फोंडा मतदारसंघाच्या पोटवेंचणुके खातीर काँग्रेस पक्षाची उमेदवारी, डॉ. केतन भाटीकार हांका फावो जाल्या. काँग्रेसीचे राष्ट्रीय अध्यक्ष मल्लीकार्जुन खर्गे हांणी डॉ. केतन भाटीकार हांचे नावाक मान्यताय दिल्याचे, पक्षान कळीत केलां. प्रदेश काँग्रेसीच्या वेंचणूक समितीन डॉ. केतन भाटीकार हांका, उमेदवारी दिवपाची शिफारस केंद्रीय नेतृत्वाक केल्ली.

रश्मी

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी काल गोंयचे आदले मुखेलमंत्री, सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांका, पुण्यतिथी निमतान, पणजे मिरामार स्मृती-स्थळाचेर वचुन आर्गां ओपली. संरक्षण प्रशिक्षणांत बायलांचो आस्पाव करपाक मेळचो म्हूण मनोहर पर्रीकार, हाणी केल्ली मुखेल भुमिकेची राज्यपालानी याद काडली. पर्रीकर हांच्या योगदानाचो उगडास काडून, राज्यपालानी तांकां श्रद्धांजली ओपली.

महेश

राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तनावाडे हांणी चित्रपट, वेब मालिका, दूरचित्रवाणी कार्यावळी आनी ओटीटी प्लॅटफॉर्मांत, तंबाखूच्या सेवनाचें चित्रण वाडत आशिल्ल्यान सभाघरांत हुस्को उक्तायलो आनी ताचो तरणाट्यांचेर जावपी परिणाम, हाचेकडेन लक्ष ओडलें. खास करून लोकप्रिय कलाकार तंबाखू खातात अशें दाखयतात, तेन्ना धूम्रपान ही 'सामान्य गजाल' अशी धारणा निर्माण जाता. अशा चित्रांक आळाबंदा हाडपा खातीर आनी भुरग्यांची आनी तरणाट्यांची भलायकी राखपा खातीर बेगोबेग पावलां उबारचीं, असो उलो तांणी सरकाराक मारला.

Dip

गोय राज्यातल्या सगळ्या सरकारी, अनुदानित आणि विनाअनुदानित शाळांनी Child Helpline क्रमांक 1098 सादर करप सक्तीचें आसा, असो निर्देश शिक्षण संचालनालयान दिला . 1098 हो हेल्पलायन क्रमांक वेगवेगळ्या मुखेल सुवातेर, शाळांनी आनी हेर भौशीक सुवातेर दाखोवचो' अशे आवाहन शिक्षण संचालनालयान केला.

Rashmi

सरकारान बेकायदेशीर रितीन विधानसभा अधिवेशनांत आळाबंदा हाडला. हाका लागुन कलम 39 अ सयत, गोंयच्या महत्वाच्या प्रस्नांचेर चर्चा करपाक मेळ्ंक ना, असो आरोप काँग्रेस फुडारी सुनील कवठणकर हांणी केला. सरकारान आचारसंहितेचो उल्लेख केला,

पूण पोट वेंचणुको आसून लेगीत महाराष्ट्रांत अधिवेशन चालू आसात, अशें तांणी नदरेक हाडलें.

Rashmi

सोरो धोरण प्रकरणांत निरपराधी थारल्या उपरांत, आम आदमी पक्षाच्या गोंय फाट्यान पणजेंत, राष्ट्रीय संयोजक अरविंद केजरीवाल हांचे अभिनंदन करपी खासा कार्यावळ आयोजित केल्ली. ह्या वेळार राज्यभरांतले पक्ष फुडारी, कार्यकर्ते, समर्थक ह्या कार्यावळीक व्हड प्रमाणांत हाजीर आशिल्ले. जॅक सुखीजा-सीसीपी वेंचणुकेंत सुवात मेळोवपी आपचो पयलो काउन्सिलर-तशेंच जिल्लो पंचायत वेंचणुकेंत जैतिवंत जाल्ल्या आंतोनियो लिआओ फर्नांडीसांचो ह्यावेळार भोवमान केलो.

खेळ

गोवा जीएसबी स्पोर्टस अँड चॅरिटेबल ट्रस्टच्या, जीएसबी युनिटी कप क्रिकेट सर्तींत, सीडी फाऊंटन-हेड पंगडान वस्ताद पण मेळयले. निमाणे खेळात ताणी डेझर्टस एन मोअर पंगडाचेर १९ धावांनी जैत जोडले. हो खेळ मडगाव क्रिकेट क्लबच्या डॉ. राजेंद्र प्रसाद स्टेडियमार जाला.

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 33 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 23 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला. राज्यात आयज आनी फाल्या काय सुवातांचेर पावस पडपाची शक्यताय आसा, अशे वेधशाळेन कळीत केला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार